Panaji

Regional News

03.06.2025  7.20 pm

- 2027 मेरेन गोंयांत पर्यावरण पुरक उर्जेचो उपेग करपाच्या हेतान सौर उर्जेवरवी 21 हजार 200 सोलर रुफ टॉप बसवपाची मोख राज्य सरकारान दवरल्या
- नावेलीच्या २ सिग्नल ट्रेनिंग केंद्राचेर प्रशिक्षण दिल्ल्या ५३० अग्निविरांच्या नव्या पंगडाक आयज ब्रिगेडियर हर्ष भाटिया हांचे उपस्थितीत सैन्यात दाखल जावपा खातीर सज्ज केले
- टॅक्सी एग्रीगेटर पर्यटकांक येरादारी मळार गोंयांत खुब फायदो जातलो अशें मत पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी उक्तायला
- आंतरराष्ट्रीय योग दिसानिमतान 21 जून क आपल्या संबंदीत कार्यालयांची खंयच्याय हेर संस्थेत आयोजीत योग शिबिरांनी सगळयां सरकारी कर्मचाऱ्यांनी वांटो घेवप सक्तीचें आसा, असो आदेश सर्वसादारण प्रशासन खात्यान जारी केला

2027 मेरेन गोंयांत पर्यावरण पुरक उर्जेचो उपेग करपाच्या हेतान सौर उर्जेवरवी 21 हजार 200 सोलर रुफ टॉप बसवपाची मोख राज्य सरकारान दवरल्या. हे फांटभुयेंर आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री सुर्य घर येवजणेविंशी पर्वरे मंत्रालयात नियाळ घेवपी खासा बसका घेतली. घरगुती उपेगाखातीर सौरउर्जेच्या वापर सच्या कामां खातीर करता. 21,200 सोलर रुफ टॉप लागी लागी 65 मेगा वेट उर्जा निर्मिती करुंक शकता, जाल्यार मद्यम वर्गीय घरब्याक प्रधानमंत्री सुर्य घर , मुफ्त बीजली येवजणेचो चडान चड लाव मेळोवन दिवपाक रिन्यवेबल एनर्जी खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी लोकामदी चडान चड जागृताय करची असो आदेश मुखेलमंत्र्यान संबंधित अधिकाऱ्यांक ह्या बसकेत दिला. आजुन मेरेन ह्या येवजणे वरवी 4.28 कोटी रुपया सवलतीच्या स्वरुपान सरकारान खर्च केला. जाल्यार सोलर रुफ टॉप बसयल्या उपरांत 25 वर्सा तांचि देखभाल करपाचो नेम सराकरान सोलर रुप बसोवपी कंपन्याक घालुन दिला. हे शिवाय मोठ्या बिल्डीगेंनी, हॉटेलांनी, सरकारी आस्थापनांनी, तशेचं रहिवाशी बिल्डीगांनी सौर उर्जेचो

उर्जा निर्मिती खातीर उपेग करचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंयकारांक केला.

नावेलीच्या २ सिग्नल ट्रेनिंग केंद्राचेर प्रशिक्षण दिल्ल्या ५३० अग्निविरांच्या नव्या पंगडाक आयज ब्रिगेडियर हर्ष भाटिया हांचे उपस्थितीत सैन्यात दाखल जावपा खातीर सज्ज केले. आयज त्या निमतान जाल्ल्या संचलनात ह्या अग्नीविरांनी वांटो घेतलो. देशाची राखण करप हे दरेक सैनिकाचे काम आसून हे काम पवित्र समजून ते सैनिकांनी करपाक जाय अशें ब्रिगेडियर भाटिया हांणी सांगलें. फाटली ३१ सप्तकां ह्या जवानांक रावणफोंडच्या तळाचेर प्रशिक्षण दिवपाचे काम चालू आशिल्ले. हे जवान आता सैन्यात काम करपाखातीर सक्षम जाल्यात अशें ब्रिगेडियर भाटिया हांणी सांगलें. ह्यावेळार ह्या अग्नीविरांच्या पालकांचो गौरव पदक दिवन भोवमान केलो. पियूश रमेश पाटील, रजत इंदौलिया, गोविंद कुमार हांकां तांच्या अभ्यासक्रमांतल्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर मेरिट पदक फावो जाले. तेच प्रमाण देवरा सिवा हाका शारिरीक आनी खेळां मळार सगळयांत बरो आशिल्ल्याखातीर पदक दिले. बक्ष गौडा ड्रिलांत सगळयांत उत्कृष्ट आशिल्लो.

मंत्रि सुभाश शिरोद्कार हांणी ICAR-KVK, उत्तर गोवा, ICAR-CCARI, गोवा, NABARD न गोय सरकारच्या कृषी संचालनालय, ATMA, उत्तर गोवा, पशुसंवर्धन आणि पशुवैद्यकीय सेवा संचालनालय आणि गोवा सरकारच्या मत्स्यव्यवसाय संचालनालय यांच्या सहकार्यान आयोजित केल्या "विकसित कृषी संकल्प अभियान" (खरीपपूर्व मोहीम) त वांटो घेतलो. मंत्री. शिरोडकार हानि शेतकारांक भाताच्या बियांचे किट आनी रोपणी साहित्य वांटलें.

टॅक्सी एग्रीगेटर ॲप ही काळाची गरज , ताका लागुन हो प्रस्न सुटावो करपाक टॅक्सी ॲप आसप महत्वाचे. तंत्रगिन्यानाचो उपेग करुन टॅक्सी ॲप चालीक लवपाक जाय.हे टॅक्सी ॲप पर्यटकांक येरादारी मळार गोंयांत खुब फायदो जातलो अशें मत पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी उक्तायला. सराकरान चालीक लावपाक येवजील्ले टॅक्सी ॲप जर गोंयच्या टॅक्सी वेवसायीकांक मान्य ना जाल्यार ,टॅक्सी कारांनी लेगीत जाय जाल्यार तांचे ॲप काडचे अशें मंत्री खंवटे हांणी म्हणला. ह्या टॅक्सी ॲपाचो फायदो फकत पर्यटकांक न्ही

जाल्यार गोंयकारांक सञ्ज्या येरादारी सुविदेखातीर लेगीत जातलो अशें मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

गोंयांतल्या बायलां उद्देजकांक मान दिवप, आदार दिवप आनी वलख दिवपाच्या हेतान जीसीसीआयच्या बायलां फात्यान द बिझनेस दिवा सर्तीची 6 वी आवृत्ती घडोवन हाडली. ही कार्यावळ घोशणा जाले उपरांत 3 म्हयन्यां परस चड काळ चलली आनी ती FiiRE (Forum for Innovation, Incubation, Research and Entrepreneurship) च्या सहकार्यान आनी आदारान, एंटरप्रायझ डेव्हलपमेंट मॅनेजर तुषार सावंत हांच्या सक्षम मार्गदर्शना खाला घडोवन हाडली. ही सर्त 3 विभागांनी आशिल्ली – स्टार्टअप, स्केलअप आनी रुरल वुमन एंटरप्राइझ. गोंयांतल्या बायलां कडल्यान 100 वयर नामांकनां मेळिल्ल्यान पयल्या फेरयेंत 30 नामांकनां वेंचलीं. उपरांत दुसरी फेरी दर एका विभागांत 5 अंतिम स्पर्धकां मेरेन मर्यादित जाली. नवनिर्माण आनी परिणामाचीं खबर नाशिल्यो काणयो मुखार हाडपाच्या हेतान बायलां फात्यान बिझनेस दिवा प्लॅटफॉर्म तयार केल्लो, तेच बरोबर समान विचारसरणीच्या बायलांचो एक सहाय्यक समुदाय तयार करप हो हेत आशिल्लो. ही स्पर्धा गोव्यातील इच्छुक आणि स्थापित महिला उद्योजकां खातिर उत्की आशिल्ली.

निमाणी फेरी 27 मे दिसा पणजेच्या जीसीसीआय हॉलांत जाली.दिसभर चलपी ह्या कार्यावळींत फायनलिस्टांनी आपलो वेवसाय सादर केलो आनी तातूंत डॉ. आर. निर्मला, गोवा विद्यापीठातील गोवा बिझनेस स्कूलचे प्राध्यापक, ह्यूजेस प्रिसिजन लिमिटेड, व्हर्नाचे सीएफओ, योगेश मित्तल आणि मडगावचे एसएस टेक्नॉलॉजीचि सीईओ, एकता अग्रवाल हे परिक्शक म्हन तर पद्मश्री शशी सोनी यांच्या उपस्थितीत, जीसीसीआयचे अध्यक्ष श्रीनिवास डेम्पो, , मानचि सोयरि आणि जीसीसीआयचि उपाध्यक्ष, प्रतिमा धोंड, हाच्या ह्जेरित जालो.

जैन चार्मिफाय उपविजेति - ईशा खेर, मेराकी एंटरप्रायझेस, स्केलअप श्रेणी - विजेती - श्रुती मस्कारेन्हास, सेराकोटा उपविजेतो - सुनेत्र पै फोंडेकर, कलानेत्रा, ग्रामीण बायलांचे उपक्रम श्रेणी - विजेतो - डॉ चेतना परब, सोलआर्ट गिफ्ट स्टोर उपविजेता - पूनम नायक, सुपर टेस्ट पापड हे जैतिवंत थारले

आंतरराष्ट्रीय योग दिसानिमतान 21 जून क आपल्या संबंदीत कार्यालयांची सुवात वा आपल्या लागीची शाळा, कॉलेज, पंचायत, नगरपालिका वा खंयच्याय हेर संस्थेत आयोजीत योग शिबिरांनी सगळयां सरकारी कर्मचाऱ्यांनी वांटो घेवप सक्तीचें आसा, असो आदेश सर्वसादारण प्रशासन खात्यान जारी केला.तशेंच आपल्या खात्याचे कार्यालय/संस्थे भायल्या योग सत्रात सहभागी जावपी कर्मचाऱ्यांनी सहभागी जाल्ल्याचो पुरावो म्हूण आपल्या खात्याचे मुखेली/कार्यालयाक स्वताचो फोटोग्राफ सुपुर्द करपाक जाय. मजगती, सगळीं खातीं /कार्यालयां/स्वायत्त संस्थां/म्हामंडळांच्या मुखेल्यांनी आपली खातीं आनी उपकार्यालयांनी 21 जूनाक योग सत्रां आयोजीत करपाची सगळीं आवश्यक वेवस्था करपाची आनी योग सत्रां घेवपाक संपर्क करपी संघटनांक आपल्या कार्यालयांनी सुवात उपलब्ध करून दिवपाचो आदेश दिला. योग सत्रांविशी नोंदणी आनी सहभागा विशींची म्हायती yoga.ayush.gov.in/yoga-sangam चेर अपलोड करची. आनि योग सत्र आयोजीत करपा खातीर सकयल्या खंयच्याय संघटने कडेन संपर्क करचो.

पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान ५ जूनाक संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान राजभवनाच्या दरबार हॉलांत राज्य पांवड्यावेली कार्यावळ घडोवन हाडल्या. संवसारीक पांवड्यार प्लास्टीक प्रदुशण सोंपोवप ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेचेर ही कार्यावळ जातली. ह्या कार्यावळींत गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, पर्यावरण आनी हवामान बदल मंत्री ॲलेक्स सिकेरा , उत्तर गोंयचे खासदार आनी केंद्रीय उर्जा मंत्री श्रीपाद नायक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हाजीर रावतले. उक्तावण उपरांत डॉ समीर जोशी ‘प्लास्टीक प्रदुशण सोंपवपा खातीर कांय पर्याय’ ह्या विशयाचेर व्याख्यान दितले. ताचे उपरांत ग्वाडालूप डायस हांणी बरयल्लें आनी सादर केल्लें रस्त्या नाट्य सादर जातलें. उपरांत डॉ प्रकाश आमटे आनी डॉ मंदाकिनी आमटे ह्या दोगांयची मुलाखत आसतली

गोंय कोंकणी अकादमीन फुडल्या तीन वर्सांच्या काळाखातीर नव्या सर्वसादारण मंडळाची नियुक्ती करपा खातीर कोंकणी भाशा, साहित्य आनी संस्कृतीच्या मळार वावर करपी नोंदणीकृत संस्थां कडल्यान अर्ज मागयल्यात. संस्थांनी फाटल्या पाच वर्सांच्या कार्याचो अहवाल सादर करपाक जाय. तशेंच अकादमीच्या सर्वसादारण मंडळाचेर प्रतिनिधीत्व करपाक इत्सुक आशिल्ल्या व्यक्तिंनी आपले अर्ज गोंय कोंकणी अकादमी, संचार भवन, 5 वो माळो, बीएसएनएल, पाटो पणजी हांगा कामाच्या दिसांनी 11 जून मेरेन सुपुर्द करचे.

एनसीईआरटीन ५ लाखांपरस अधिक पायरेटेड पाठ्यपुस्तका जप्त केली, १४ महिन्यांत २९ एफआयआर नोंदयले.राष्ट्रीय शैक्षणिक संशोधन आणि प्रशिक्षण परिषद (एनसीईआरटी)न पायरेटेड एनसीईआरटी पाठ्यपुस्तकांची निर्मिती, वितरण आणि विक्रीत सहभागी आशिल्या गुन्यावकारा आड कारवाई कला. पायरसीबाबत शून्य-सहिष्णुता धोरण स्वीकारत, एनसीईआरटीन पायरेटेड एनसीईआरटी पाठ्यपुस्तकांच्या ५ लाखां परस चड प्रती, २० कोटींपरस अधिक किमतीचे प्रचंड प्रमाणात छपाई कागद आणि यंत्रसामग्री जप्त केली एनसीईआरटीन पायरेटेड एनसीईआरटी पाठ्यपुस्तकांचे प्रिंटर, गुदाव मालक आणि किरकोळ विक्रेत्यां आड २९ एफआयआर लेगीत नोदयल्या एका निवेदनात, शिक्षण मंत्रालयान म्हणला की गेल्या १४ महिन्यांत ही कारवाई केली. मंत्रालयान म्हणला की पायरेटेड पाठ्यपुस्तकांच्या धोक्याक आळा घालपाक एनसीईआरटीन त्यांच्या पाठ्यपुस्तकांची गुणवत्ता, सुलभता आणि सुरक्षितता वाडोवपाक कागद आणि छपाईच्या गुणवत्तेत लक्षणीय सुधारणा, वेळार छपाई आणि बाजारात पाठ्यपुस्तकांची फावती उपलब्धता सुनिश्चित करप आणि पायरेटेड पुस्तकांच्या उत्पादन आणि वितरणाविरुद्ध सक्रिय कारवाई आसपावता

राज्यात नैरुत्य मान्सून सक्रिय जाला. फाटल्या 24 वरात राज्यात चडशा सुवातिनि हलको ते मध्यम पाऊस पडला. चडान चड तापमान 32.6 डीसी आणि उणयात उणे 24.5 डीसी आणि हवेतली आर्द्रता 92% नोंद जाल्या. नैरुत्य आनी अस्तंत मध्य अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी

आनी अस्तंत मध्य अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी वराक ४५ ते ५५ किमी. वेगान वादळी वारे व्हावपाची शक्यता आसा. या काळात नुसते मारपयांनी दऱ्यांत वचचे नय असो सललो बेधशाळेन दिला तशेच गोय आणि कोकणात घोगयानी पावस पडू येता असो अदमास उत्तायला

इंडोनेशिया ओपन 2025 सर्तींत दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी पीव्ही सिंधून इस्टोरा सेनायन हांगा जाल्ल्या इंडोनेशिया ओपनाच्या 32 व्या फेरयेंत जपानाच्या नोझोमी ओकुहारा आड तीन खेळांची मॅच जिखली. जपानी शटलरा आड 22-20, 21-23, 21-15 अशी जैत मेळोवन सिंधु दुसरे फेरयेंत गेल..